Akashwani Panaji 2nd July  2026 National news 8.40 am

* प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज नवी दिल्लींत आपल्या जपानी समकक्ष सनाए ताकाइची हांचे कडेन वर्सुकी शिखर सभे पातळेचेर उलोवणी करतले.

* काल नवी दिल्लींत जाल्ले बारावे उपसमिती बसकेंत भारत आनी मलेशिया हांणी द्विपक्षीय लश्करी सहकार्याच्या घडामोडींचेर नियाळ घेतलो.

* भलायकी मंत्री जगत प्रकाश नड्डा हांच्या अध्यक्षतेखाला काल दिल्लींत डेंगूचे पूर्व तयारी विशीं उच्च पांवड्यावेली नियाळ बसका जाली.

* केंद्रीय शिक्षण मंत्री धर्मेंद्र प्रधान हांणी नवी दिल्लींत अस्तंत बंगालाचे  उच्च आनी तंत्रीक शिक्षण मंत्री कडेन चर्चा केली.

Draupadi Murmu -

2047 मेरेन 'विकसीत भारत' चें सपन साकार करपा खातीर तरणाट्यांनी समर्पण, प्रामाणीकपणा आनी नैतीक मुल्यांच्या उत्कृश्टताये खातीर यत्न करचो असो  उलो राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हाणी मारलो. अनंतपूरांतल्या 'आंध्र प्रदेश केंद्रीय विद्यापीठाच्या' पयल्या दीक्षांत सुवाळयांत मुखेल सोयऱ्यो म्हूण उलोवप करतना राष्ट्रपती मुरमू हांणी..

तरणाट्यांची उर्जा, प्रतिभा आनी वचनबद्धताय एक समावेशक आनी समृध्द राष्ट्र उबारपाक निर्णायक भुमिका घेतले अशें म्हणून तांच्यांची सांगलें... (byte)

Pm

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज नवी दिल्लींत आपल्या जपानी समकक्ष सनाए ताकाइची हांचे कडेन वर्सुकी शिखर सभे पातळेचेर उलोवणी करतले. ह्या शिखर सभेंत दोनूय वटांनी द्विपक्षीय सहकार्याचेर  नियाळ घेवपाची आनी घटमूट करपाची संद मेळटली तशेंच परस्पर हिताच्या प्रादेशिक आनी संवसरीक प्रस्नांचेर मतांचे आदान-प्रदान करपाची संद मेळटली. प्रधानमंत्री मोदी आनी प्रधानमंत्री ताकाइची हांचे मदीं जाल्ले उलोवणे उपरांत कितलेशेचसंजिकायेच्या कबलातीचेर  स्वाक्षरी

जावपाची शक्यताय आसा.जपानी प्रधानमंत्री भारताच्या तीन दिसांच्या भोंवडेर काल सांजवेळा नवी दिल्लीत पावल्यो . प्रधानमंत्री ताकाइचीची ही पयली अधिकृत भेट . भारत आनी जपान हांचे मदली खाशेली रणनिती आनी संवसरीक भागीदारी मुखार व्हरपा खातीर ही भेट म्हत्वाची अशें विदेश वेव्हार मंत्रालयान सांगलां. अर्थीक सुरक्षा ह्या संबंदाचो एक मुखेल खांब थारला.फ्रांसांत जाल्ल्या जी-7 शिखर सभेंत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी जपानी प्रधानमंत्री कडेन संवाद सादलो. हाचे आदीं फाटल्या वर्सा नोव्हेंबरांत जोहान्सबर्गांत जाल्ले जी-20 शिखर सभेचे फाटभुयेर दोनूय फुड्यारायांची भेट जाल्ली . वर्सुकी शिखर परिशद ही भागीदारीचो रणनितीचो आराखडो चालीक लावपी मुखेल माची जाल्या . जपान-भारत मदि आदान-प्रदान आनी सहकार्या खातीर 2025 वर्सा वर्सुकी शिखर सभे वेळार एक कृती आराखडो सुरू केल्लो, जातूंत भारतांतल्यान जपान मेरेन 50 हजार कुशळ कर्मचाऱ्यां सयत 5 वर्सांत पांच लाख कर्मचाऱ्यांचो द्विपक्षीय आदान-प्रदान करपाची कल्पना केल्या.वर्सुकी शिखर परिशद सोडल्यार विदेश वेव्हार मंत्री, संरक्षण मंत्री, विदेश वेव्हार सचीव मंदी नेमान उच्च पांवड्यावेली बसका जातात.

Malaysia

काल नवी दिल्लींत जाल्ले बारावे उपसमिती बसकेंत भारत आनी मलेशिया हांणी द्विपक्षीय लश्करी सहकार्याच्या पुराय घडामोडीचेर नियाळ घेतलो. भारत-पॅसिफिकांत शांतताय, सुरक्षा आनी येरादारी स्वातंत्र्या खातीर दोनूय वटांनी आपली वचनबद्धताय दाखयल्या अशें संरक्षण मंत्रालयान सांगलें. लश्करी- आदान-प्रदान, द्विपक्षीय संबंध , प्रशिक्षण, कर्मचारी उलोवणी, क्षमता निर्माण, दर्यावेलो सहकार आनी हेर क्षेत्रांत सहकार्य सयत चालू आशिल्ल्या संरक्षण संलग्नतायेचो आस्पाव ह्या चर्चांनी केलो. उपसमिती बसका दोनूय देशांमदीं मुखेल लश्करी-लश्करी सल्लागार यंत्रणा म्हूण काम करता आनी संरक्षण सचीवाच्या पांवड्यार जावपी भारत-मलेशिया संरक्षण सहकार बसके पयलीं जाता. भेट दिवपी शिश्टमंडळान संरक्षण सचीव राजेश कुमार सिंग हांका भेट दिवन नवी दिल्लींतल्या संवसारीक वेपार केंद्रांतल्या संरक्षण भौशीक क्षेत्रांक भेट दिली. बसके आदीं मलेशियाच्या शिश्टमंडळाच्या मुखेल्यान नवी दिल्लींतल्या राश्ट्रीय झुजाच्या स्मारकाचेर फुलांची माळ ओपून भारताच्या नायकांक आरगा ओपली

Assam

हालींच्या हुंवाराच्या परिस्थितीक फूड करपाखातीर  केंद्र सरकारान आसामाक पुराय आदार दिवपाची खात्री दिल्या. केंद्रीय कृशी आनी ग्रामीण उदरगत मंत्री शिवराज सिंग चौहान आनी केंद्रीय संसदीय वेव्हार मंत्री किरेन रिजिजू हांणी काल सांजवेळा गुवाहाटींत आसाम सरकारा कडेन जाल्ले हुंवाराचे नियाळ बसकेंत हें आश्वासन दिलें. केंद्रीय मंत्र्यांनी आसामांतल्या  हुंवाराच्या परिस्थितीचो नियाळ घेतलो, तातूंत सगळ्यांत चड त्रास जाल्ल्या धेमाजी जिल्ह्यांतल्या हुंवाराचे परिस्थितीचो नियाळ घेतलो आनी  प्राथमीक प्रमाणाचें मुल्यांकन केलें. अंदूच्या पयल्या व्हडल्या हुंवाराक लागून 13 जिल्ह्यांचेर परिणाम जाला आनी सुमार 72 हजार लोकांचेर परिणाम जाला अशी म्हायती आसामाचे मुखेल सचीव रवी कोटा हांणी केंद्रीय मंत्र्यांक दिली. धेमाजी जिल्ह्यांत सुमार 50 हजार बाधित लोक आसात अशे कळयला .

Nadda

भलायकी मंत्री जगत प्रकाश नड्डा हांच्या अध्यक्षतेखाला काल दिल्लींत डेंगूचे पूर्व तयारी विशीं उच्च पांवड्यावेली नियाळ बसका जाली. भलायकी मंत्र्यानि  बसकेंत उलयतना राज्य आनी नगरपालिका संस्था आपली तयारी स्पश्टपणान दाखोवन खंयच्याय संभाव्य उदरगतीची सक्रियपणान अदमास घेवपाक आनी तयारी करपाक सज्ज आसात अशें ताणी सांगले . राज्यांनी, वेंचून आयिल्ले प्रतिनिधी, आनी रेसिडेन्ट वेलफेअर असोसिएशन (आरडब्ल्यूए) हांकां जागृताय आनी प्रतिबंधात्मक यत्नांत सक्रीयपणान गुंतवपाचो उलो तांणी मारला. तांणी भलायकी मंत्र्याक  डेंग्यू परिस्थिती आनी देशभरांत तयारीच्या उपायांची म्हायती दिली.

Goyal

केंद्रीय वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांणी आयज ए.पी.मोलर - मॅर्स्क गटांतल्या मालमत्ता रणनितीचे मुखेली अहमद हसन हांचे कडेन जाल्ले बसकेंत भारताच्या दर्यावेल्या क्षेत्राक घटमूट करपा विशीं चर्चा केली. सोशल मिडियाचेर मंत्री  गोयल हानी  , जहाज बांदप, , जहाज दुरुस्त करप, जहाज पुनरचक्रन करप ह्या मळार गुंतवणूक करून देशाच्या दर्यावेल्या क्षेत्राक बळगें मेळू येता अशे सांगले . तशेंच खोलायेन उद्देगीक सहकार्या वरवीं संवसरीक दर्यावेल्या आनी रसद केंद्र म्हणून भारताची स्पर्धात्मकता वाडोवपा विशीं विचारांचो आदान-प्रदान केला अशें ताणी मुखार  सांगलें

Pradhan

केंद्रीय शिक्षण मंत्री धर्मेंद्र प्रधान हांणी नवी दिल्लींत अस्तंत बंगालाचे उच्च आनी तंत्रीक शिक्षण मंत्री जगन्नाथ चट्टोपाध्याय आनी अस्तंत बंगालाचे शाळा शिक्षण मंत्री दिपक बर्मन हांचे कडेन सविस्तर चर्चा केली. केंद्रीय शिक्षण मंत्रालयान राज्यांत चालीक लायिल्ल्या वेगवेगळ्या येवजण्यांची अंमलबजावणी, विस्तार आनी निधी वाटप हांचेर चर्चा जाली अशें शिक्षण मंत्रालयान सांगलें. ह्या येवजण्यांनी शिक्षण कार्यावळ, प्रधानमंत्री उच्च शिक्षण अभियान, आनी प्रधानमंत्री पोशन शक्ती निर्माण हांचो आस्पाव जाता. बसके वेळार पीएम श्री शाळां नाशिल्ल्या ब्लॉकांनी, तशेंच शारी थळाव्या संस्थांनी वाडोवपाचोय निर्णय घेतलो.राज्यांत राष्ट्रीय शिक्षण धोरण (एनईपी) 2020 प्रभावीपणान चालीक लावपा खातीर केंद्र सरकार गरजेचो सगळो आदार दितलें अशें चर्चा वेळार मंत्री प्रधान हांणी दोनूय मंत्र्यांक आश्वासन दिलें अशें मंत्रालयान सांगलें. nep च्या दृश्टीकोना प्रमाण राज्यांतल्या शिक्षणीक क्षेत्राच्या पुनरजीवनाक मंत्रालय कटिबद्ध आसा अशें तांणी सांगलें.

Jitendra

कार्मिक, भौशीक कागाळी आनी पेन्शन वितरण मंत्री डॉ.जितेंद्र सिंग हानी काल प्राध्यापक विविधताय, संस्थांनी सहकार्य, परस्पर संवादात्मक शिकप आनी सामुग्री अद्ययावत करून शिकोवपाच्या अभ्यासक्रमांत सतत सुदारणा करपाचो उलो मारला. नवी दिल्लींतल्या इंडियन इन्स्टिट्यूट ऑफ पब्लिक एडमिनिस्ट्रेशनांत भौशीक प्रशासनांतल्या 52व्या प्रगत वेवसायीक कार्यावळीचें उक्तावण तांणी केले. एकुणिसाव्या शेंकड्यांतल्या शासनाक लागून तंत्रगिन्यान, नवनिर्माण आनी नागरिकांच्या सहभागान चलपी युगांत सतत शिकपाक, आनी आत्मविस्वासान फुडाकार घेवपाक सक्षम अशे नवे पिळगेचे प्रशासक जाय अशें पाणी स्पष्ट केले . विकसित भारत @2047 खातीर तांणी क्षमता निर्माण करपाचें काम सोंपयिल्ल्या संस्थांनी नेटान बदलपी शासन प्रासंगीक उरपा खातीर सतत उदरगत करची पडटलीअशे मुखर सांगळे .पारदर्शकता, जापसालदारकी, तंत्रज्ञानान चलपी सेवा दिवप आनी वेळापत्रक चालीक लावपाचेर चड भर दिवन फाटल्या दशकांत शासनांत मुळावें रुपांतर जालां अशें तांणी अधोरेकीत केलें. नागरी सेवकां कडल्यान अपेक्षा परंपरीक प्रशासना परस खूब पयस जाल्या आनी आतां तंत्रगिन्यान, डिजिटल

शासन, भौशीक संवाद आनी सहकार्यान धोरण तयार करपाची समजूत जाय अशें मंत्री  सिंग हानी सांगलें.

Imd

भारतीय  हवामान खात्यान , फुडल्या दोन दिसांत दिल्ली, हरियाणा, चंडीगढ, पंजाब, अरब , गुजरात, मध्य प्रदेश, उत्तर प्रदेश, आनी राजस्थानातं  पावस पदपाची शक्यताय आसा. तशेंच फुडल्या 2 दिसांत  कर्नाटक, गुजरात, कोंकण, गोंय आनी मध्य महाराष्ट्रात  घोग्यांनी  पावस पडपाची शक्यताय आसा .

**फीफा विश्व कप**

फिफा विश्वकरंड सरतींत  बेल्जियमान सेनेगलाचेर 3-2 अशी मात करून 16 व्या फेरयेंत पावल घाले.आतां बेल्जियम सोळाव्या फेरयेंत अमेरिका आनी बेस्निया आनी हर्झगोव्हिना हांचे मदल्या मॅचींत जैतिवंत जातलो

Partun ekfavt aycho mukhel khabro

* प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज नवी दिल्लींत आपल्या जपानी समकक्ष सनाए ताकाइची हांचे कडेन वर्सुकी शिखर सभे पातळेचेर उलोवणी करतले.

* काल नवी दिल्लींत जाल्ले बारावे उपसमिती बसकेंत भारत आनी मलेशिया हांणी द्विपक्षीय लश्करी सहकार्याच्या घडामोदींचेर नियाळ घेतलो.

* भलायकी मंत्री जगत प्रकाश नड्डा हांच्या अध्यक्षतेखाला काल दिल्लींत डेंगूचे पूर्व तयारी विशीं उच्च पांवड्यावेली नियाळ बसका जाली.

* केंद्रीय शिक्षण मंत्री धर्मेंद्र प्रधान हांणी नवी दिल्लींत अस्तंत बंगालाचे  उच्च आनी तंत्रीक शिक्षण मंत्री कडेन चर्चा केली.

----------------------